## आकाशवाणी पणजी

## राष्ट्रीय खबरो

Date : 07/01/2026 6.30 PM

४०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयतारा गुजरातांतल्या सोमनाथ देवळाक भेट दितले. सोमनाथ स्वाभिमान पर्व निमतान वर्सभर वेगवेगळ्या कार्यावळीचे आयोजन केला . सोमनाथ देवळाचेर जाले पयल्या हल्ल्याक 1हजार वर्सां जातात ते निमतान 8 ते 11 जानेवारी मेरेन जायत्यो आध्यात्मिक आनी समाजीक कार्यावळी घडोवन हाडटले.

४०

गोंयांत क्कार्यान्वित केल्या भारतीय तटरक्षक दलाचे 'समुद्र प्रताप' बोटीची आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तोखणाय केली. तशेच भारताच्या दर्यावेल्या प्रवासांतलो हो एक मैलाचो फातर आसा जाका लागून संरक्षण आनी दर्यावेल्या क्षमताय मळार भारताची आत्मनिर्भरताय आनीक घट जाल्या अशें ताणी सांगलें.

४०

दशकां सावन देशांतल्या आतंकवादाक आदार दिवपा हेतान पाकिस्तान आतंकवादी प्रशिक्षण शिबिरां चलयता अशी खर टिका विदेश मंत्री डॉ जयशंकर हांणी केल्या.bytes

ऑपरेशन सिंदूरावेळार कांय देशांनी फकत तणावाचेर हुस्को उक्तायलो पूण मुळाव्या प्रस्नां कडेन आड्नदर केली अशे आयज लक्सेंबर्गांत भारतीय समाजा वांगडा उलयताना ताणी म्हणला.

०

देशांतल्या मुळाव्या साधनसुविधांची उदरगत नेटन करपा खातीर अर्थीक वेव्हार खात्यान तीन वर्सांचो भौशीक-खाजगी भागीदारी (पीपीपी) प्रकल्प तयार केला.हतुत 852 प्रकल्प आसपावीत आसात, जाचो वट्ट खर्च ₹17 लाख कोटी परस चड आसात. खाजगी क्षेत्रांतल्या सहभागाक एक संघटित चौकटी तयार करून राष्ट्रीय मुळाव्या साधनसुविधांक चालना दिवप हो ताचो हेतू आसा अशे अर्थ मंत्रालयान सांगला .

७०

स पदरी बंगळूर-कडपा-विजयवाडा अर्थीक मार्गाच्या वनवोलू-वनकरकुंटा विभागाचेर बिटुमिनस कॉंक्रीट घालपा खातीर भारतीय राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान दोन गिनीज वर्ल्ड विक्रम साध्य केल्यात. हो म्हामार्ग, कर्नाटक आनी आंध्र प्रदेश मदलो संपर्क घटमूट करतलो. तशेंच

वेपार, पर्यटन आनी प्रादेशिक अर्थीक वाड बेगीन, सुरक्षीत आनी अखंड हालचाली वरवीं आदार दितलो अशे  राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान सांगलें.  हीं विक्रमी कामगिरी संवसारीक दर्ज्याची राष्ट्रीय म्हामार्ग मुळावी बांदावळ विकसीत करपाची देशाची वाडत वचपी क्षमता आनी वचनबद्धताय दाखयता.

60

तीन दिसांची  भारत आंतरराष्ट्रीय लोकशाय आनी वेंचणूक वेवस्थापन परिशद (आयआयसीडीईएम) 21 जानेवारीक नवी दिल्लीच्या भारत मंडपात जातली. भारतीय  वेंचणूक आयोगाच्या आदारान आंतरराष्ट्रीय लोकशाय आनी वेंचणूक वेवस्थापन संस्था आनी मजत संस्था हांच्या सहकार्यान ही परिशद घडोवन हाडटा. समावेशक, शांतताय, लवचीक आनी टिकावू संवसारा खातीर लोकशाय” हो ह्या परिशदेचो विशय “आसा अशे आयज नवी दिल्लींत जाल्ले परिशदेत आयआयडीईएमचे सरसंचालक राकेश वर्मा हांणी सांगलें.

५०

वीज आनी उर्जा प्रणाली ही देशाच्या हवाई क्षमतांचो जीव आसा अशें एअर मार्शल संजीव घुरातिया हांणी सांगलें. मिलिटरी पॉवर सिस्टम्स इंडिया 2026 चे ताणी उक्तावण केले . संरक्षण आनी हवाई यंत्रणा आतां फकत आदार दिवपी घटक न्हय, तर कार्यकारी गती आनी लवचीकताये खातीर चालक शक्त आसात अशें तांणी सांगलें. Bytes

३०

भारतीय अंतराळ संशोधन संघटना (इसरो) पीएसएलव्ही-सी62 मोहीम  ह्या म्हयन्याच्या 12 तारखेक चलीक लायतले .आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीहरिकोटा हांगाच्या सतीश धवन अंतरिक्ष केंद्रांवेल्यान सकाळीं 10:17 वरांचेर हे रॉकेट प्रक्षेपीत करतले अशी म्हायती इसरोन सोशल मिडियावरवी दिल्या. ह्या मोहेमेंचो मुखेल पेलोड म्हळ्यार धर्तरेचो निरिक्षण उपगिरो  ईओएस-एन१ हो आसा . हो उपगिरो  संरक्षण संशोधन आनी विकास संघटणे खातीर छायाचितत्रा काडपाचे काम करतलो. ह्यातुत भारत आनी हेर देशांतले 18 उपगिरे अंतराळात धाडटले.

हवामान ३५

भारतिय हवामान खात्यान फुडले दोन दीस पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, ओडिशा मध्य प्रदेश, झारखंड, विदर्भा छत्तीसगडांतय आनी राजस्थानांत शियांच्या ल्हरांचो अदमास उक्तायला .

तशेच पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी उत्तर प्रदेशात सामके दाट धुकें पडपाची शिटकावणी दिल्या. मजगतीं, दिल्ली-एनसीआर वाठारात हवेचो दर्जो सामको वाईट श्रेणीत आसा.

स्पोर्ट्स 60

ब्रिटीश ज्युनियर ओपन स्क्वास वस्ताद्पण सर्तीत 19 वर्सां सकयल्या बायलांच्या फायनलींत भारताचे  अनाहत सिंग हिणें रुप्या पदक जिखलें.

2026 वर्साचे दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषक मॅची भारतांतल्यान दुसऱ्या देशांत व्हरपाची बांगलादेश क्रिकेट मंडळाची मागणी  आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मंडळान  न्हयकारल्या

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुंक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  -